# माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

## १४-८-२०१५

माननीय सदस्य,

१. आता आमी ह्या अधिवेशनाच्या शेवटच्या पावण्याचेर आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप करतात. हें अधिवेशन २७ जुलय, २०१५ ह्या दिसा सुरू जाल्ले. एकूण १५ बैठको जाल्यो आनी तातून १२० वरां आनी ४४ मिं. च्या कालावधीन सभागृहान म्हत्वाचे आनी अर्थपूर्ण अशे कामकाज जाले.

२. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, १,००० तारांकित आनी १,९५३ अतारांकित अशी एकूण २,९५३ प्रश्नांखातीर सुचना आयल्यो. तातूतल्यान १,७६२ प्रश्न सदस्यानी ऑनलायन धाडल्यात. तातून ११८ प्रश्न मराठी आनी कोंकणी भाशेन आयिल्ले. ८३६ तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी ७५ तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ले ७३१ तारांकित आनी १,९५३ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभागृहाच्या पटलाचेर दवरल्यो. फाटल्या अधिवेशनातले ४ तारांकित आनी ३ अतारांकित प्रश्न ह्या अधिवेशनान घेतले. १० तारांकित आनी ११ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडें धुकल्ले.

मुद्दम नमूद करपासारकी गोष्ट म्हणजे श्री. विष्णू वाघ हांच्यानी विचारिल्ले सगळे प्रश्न तारांकित आनी अतारांकित, कोंकणी वा मराठीतल्यान आसले. आमी सगळ्यांनीच तांचे अनुकरण करपाक जाय. हांव तांचे खास अभिनंदन करता.

३. कामकाज सल्लागार समितीचो दुसरो अहवाल (२०१५) सभागृहा मुखार मांडलो आनी तो संमत केलो.

४. ह्या अधिवेशनान, २८ शोक निर्देशक सुचना, १ शोक प्रस्ताव आनी ९ अभिनंदनाचे प्रस्ताव आयले ते सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान २६० कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली आनी २१ शुन्यकालाचे उल्लेख ह्या अधिवेशनान आयले. नियम ६४ खाला २ म्हत्वाचे विशयाचेर अल्प कालावधी चर्चा जाली.

५. २७ आनी २९ जुलय, २०१५ ह्या दिसा २०१५-२०१६ ह्या वर्साखातीर गोंय राज्याच्या अर्थसंकल्पाचेर सर्वसाधारण चर्चा जाली. माननीय मुख्यमंत्र्यान त्या चर्चेक उत्तर दिले.

६. २०१५-२०१६ वर्साखातीरच्या ८७ अनुदान मागण्यो आनी तांच्या खातीर आयिल्ल्यो ७८ कपात सुचोवण्यो सभागृहामुखार मांडल्यो. त्यो १२ दिस चलील्या चर्चे उपरांत कपात सुचोवण्यो मतदानाक घालून त्यो सभागृहान न्हयकारल्यो आनी अनुदानित मागण्यो मतदानाक घालून संमत जाल्यो. गोंय विनियोग(क्र.२) विधेयक, २०१५, ह्या खातीरच्या अर्थसंकल्पा संदर्भातले विधेयक सभागृहान सादर करून, विचारांत घेतले आनी मंजूर केले.

७. अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१५-२०१६ (पयलो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताज्या अनुषंगान गोंय विनियोग (क्र.३) विधेयक, २०१५, मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केले.

८. सभागृहान संमत केल्ल्या ६ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्याचे सभागृहाच्या निदर्शनाक हाडले. १४ सरकारी विधेयकां सभागृहा मुखार मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केली. १ सरकारी विधेयक चिकित्सा समितिकड़े सुपुर्द केले २ खाजगी विधेयकां सभागृहामुखार मांडली.

९. माननीय सदस्या कडल्यान १५ खाजगी प्रस्ताव आयले, सगळ्या प्रस्तावांचेर चर्चा जावन मतदानाक घालून, सदस्यांनी सरकाराकडल्यान योग्य

आश्वासना उपरांत सभागृहाची अनुमती घेवन ते प्रस्ताव फाटी घेतले. तातूतलो १ प्रस्ताव न्हयकारलो.

१०. पेपरलॅस अशी संकल्पना घेवन ही ई-ॲसेंब्ली आमी यशस्वीपणान फुडे व्हेली. नव्या तंत्रज्ञानाचो उपेग आमच्या दैनंदिन जीवनान जावपाची गरज आसा हातूतल्यान वेळ, पैसो आनी कष्ट मोठ्या प्रमाणान वाचता. पर्यावरणाचो साभाळ हो तर सगळ्यान व्हडलो लाभ. विधानसभेच्या फाटल्या म्हणजे नवव्या सत्रापासून खऱ्या अर्थान पेपरलॅस जाली. ह्या अधिवेशनान कितले प्रश्न विचारले ही आकडेवारी फाटी आयल्याच. हांव तुमच्या मुखार वेगळी आकडेवारी दवरता. १५ दिसांच्या प्रश्नोत्तर आनी हेर कामाखातीर प्रचंड प्रमाणार कागद लागता. अधिवेशनान विचारिल्ल्या सगळ्या प्रश्नांच्यो जापो आमी कागदमुक्त अश्यो ऑनलायन दिल्यो.

११. ह्या १५ दिसांन आमकां एक कोटी आठ लाख वीस हजार A 4 कागद लागपाचो. आंतरराष्ट्रीय प्रमाण जर मानलें जाल्यार ७,५६० कागदाखातीर १ झाड कापचें पडटा. ह्या हिशोबान आमी १२९८ झाडा कापपा पासून वाचयली. पर्यावरणाच्या दृष्टीन हें खुपूच व्हडलें योगदान आसा. आर्थिक दृष्टीन विचार केल्यार कागदाचीच किंमत ६४ लाख ९१ हजार सातशें रूपया जाता.

छापपाचो आनी झेरोक्सचो खर्च धरलो जाल्यार ८१,१४,८५० रूपया जाता. अशे एकूण १ कोटी ४६ लाख, ६ हजार पांचशे पन्नास इतले रूपये आमी वाचयले.

१२. पर्यावरण आनी आर्थिक दृष्टिन केदो व्हडलो लाभ ! हें करपाक आमकां आतामेरेन ४.५० लाख हार्डवॅराखातीर खर्च जाला. DOIT चे सगळे अधिकारी आनी आमच्या विधीमंडळातले कंप्युटर सॅलाचे सगळे अधिकारी दिस रात राबले. सांगपाक खोशी दिसता कि हें सगळे करपी टॅलन्ट आसले ते सगळे आमचे गोंयकार तरणाटे. तांचे हांव खूब खूब आभार मानता.

१३. हें सुरू आशिल्ले अधिवेशन पळोवपाची संद खूबश्या विद्यालयांक आनी महाविद्यालयानी घेतली. एकूण ६५ विद्यालया आनी महाविद्यालया हांगा आयल्ली. साधारण ३८६९ विध्यार्थि आनी २८५ सुमार शिक्षक/शिक्षिका आनी तांचे स्टाफ हांगा येवन विधानसभेचे कामकाज पळोवंक शकले.

१४. १५ दिस चलिल्ले हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे नेते श्री. लक्ष्मीकांत पार्सेकर, विरोधी पक्ष नेते श्री. प्रतापसिंग राणे, आनी माननीय उप-सभापती श्री. अनंत शेट, हांचो खूब मोठो मोलाचो वाटो आशिल्लो म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे मंत्री, वेगवेगळ्या पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे

माननीय आमदार, सहकारी हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकांय धन्यवाद दिता.

१५. विधिमंडळाचे सचिव, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

१६. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी वर्तमानपत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले. राष्ट्रीय स्थरावयल्या पत्रकारानीय आमकां सहकार्य दिले म्हणून सगळ्या पत्रकारांक हांव मनातल्यान धन्यवाद दिता.

१७. फाल्या १५ ऑगस्ट, आमच्या देशाचो स्वातंत्र्य दिन. या निमतान गोंयान राष्ट्रप्रेम आनी एकत्वाची भावना जागोवपाचो संकल्प करून आमी हांगाच्यान वचूया !

स्वातंत्रदिनाच्या निमतान तुमचे आनी सगळ्या गोंयकारांचे अभिनंदन !

१८. आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

१९. हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

****************